Akashwani Panaji 4 March 2025 Regional news 7.25 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं अर्थसंकल्पा उपरांतच्या तीन वेबिनारांत वांटो घेतले. हे वेबिनार एमएसएमईचि वाड, उत्पादन, निर्यात आनी अणुऊर्जा मिशनांचें इंजिन, गुंतवणूक आनी वेवसाय करपाक सोंपेंपण सुदारणां म्हणून जातात. वेबिनार सरकारी अधिकारी, उद्देग फुडारी, आनी वेपार तज्ञांक भारताच्या उद्देगीक, वेपार, आनी उर्जा रणनितीचेर विचार करपाक एक सहकार्याचि मचि दितले. अर्थसंकल्पांतल्या परिवर्तनकारी उपायांची विनाशिल अंमलबजावणी सुनिश्चीत करून धोरणाची अंमलबजावणी, गुंतवणूक सुलभताय, आनी तंत्रज्ञान आपणावपाचेर चर्चा करतले. खाजगी क्षेत्रांतले तज्ञ, उद्देग प्रतिनिधी, आनी विशय तज्ञ यत्न एकठांय करपाक आनी अर्थसंकल्पीय घोशणांची प्रभावी अंमलबजावणी चालीक लाय्तले

---

फोंडेंच्या श्री शारदा ग्रंथप्रसारक संस्थेन ओंदूची शारदा साहित्य पुरस्कार येवजण जाहीर केल्या. हे पुरस्कार दर दोन वर्सांनी दितात. शारदा साहित्य पुरस्कार २०२५ खातीर १ जानेवारी २०२३ ते २८फेब्रुवारी २०२५ ह्या काळांत उजवाडाक आयिल्ल्या वेगवेगळ्या प्रकारांचीं पुस्तकां लेखक आनी प्रकाशकां कडल्यान आफयल्यांत. हे पुरस्कार तीन विभागांनी दितले. पयलो विभाग : मराठी साहित्य विभागांत कादंबरी, कथा, कविता, चरित्रां आनी आत्मचरित्र, नाटक संग्रह वा एकांकिका, ललित निबंद, अणकार, शास्त्रीय साहित्य, संशोधन वा गोंयकार बायलां लेखकांचे संपादीत आनी विविध साहित्या खातीर हो पुरस्कार आसतलो. तशेंच बा. भा. बोरकार काव्याप्रेरणा पुरस्कार - कवितां खातीर आनी सुरेश भट गजल प्रेरणा पुरस्कार - गजल लेखना खातीर अशे दोन पुरस्कार आसात. पुरस्कार नामांकना खातीर दरेकीं पांच रचना धाडू येता.

---

गोंय कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी गोवा मराठी पत्रकार संघाच्या जोडपालवान संसारीक बायल दीसाच्या फांटभुयेर 8 मार्चाक कल्पवृक्ष कन्येसाठी ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला.ही कार्यावळ कला अकादमीत सांजेच्या 7.30 वराचेर सुरू जातली अशे आयोजकांनी कळीत केला. ज्येश्ठ गीतकार जनकवी पी सावळाराम हांच्या गीतांचेर आधारीत सांगीतीक आनी नाट्यमय कार्यावळ ह्यावेळार जातली अशे आयोजकांनी कळीत केला.ही कार्यावळ विनाशुल्क आसतली.

---

गोंय ग्रामीण उदरगत खात्यावरवी आयोजीत जावपी सरस प्रदर्शन अंदु 6-16  मार्च ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या दर्या संगम वाठारात जातले अशी म्हायती ग्रामीण उदरगत खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दील्या.ह्या प्रदर्शनात गोयचे तशेंच गोयाभायले वेवसायीक वाटो घेतले ,जाल्यार सुमार 550 दालना ह्या प्रदर्शनात आसतली.हे शिवाय प्रदर्शनाच्या काळात सांजेची 7-ते राती 10 वरा मेरेन गोंयचे कलाकार सांस्कृतीक कार्यावळी सादर करतले अशे तांणी सांगले.प्रदर्शनाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी 6 मार्चाक सांजेच्या 6.30 वराचेर जातले अशे मंत्री गावडे हांणी ह्यावेळार कळीत केला. ह्या प्रदर्शनात एकाच दालनावेल्यान 2 हजार वा त्या परस चड रुपयाचे सामान घेतल्यार त्या गीऱ्हायकाक लकी  कुपन मेळटले.जाल्यार ह्या लकी ड्रो वरवी 3 मोटरसायकली इनामा म्हण दवरल्यात अशी म्हायती गावडे हांणी दील्या.

---

केंद्रीय वखार म्हामंडळ आनी कोंकण रेल्वे म्हामंडळान सुमार ३० कोटी रुपया खर्च करून वेर्णा हांगा बांदिल्ल्या प्रशस्त रेल्वे वेअरहाऊसाचें आयज आभासी पद्धतीन केंद्रीय वखार म्हामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक संतोष सिन्हा हांचे हस्तुकी उक्तावण केलें. आयज उतोर्डा हांगाच्या एका पाच नखेत्री हॉटेलांत हो दबाजो  जालो. ह्यावेळार  कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे मुखेल वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हाजीर आशिल्ले. ह्या वेअरहाऊसाचो गोंयांतल्या

उद्देजकांक फायदो जातलो आनी ह्या वेअरहाऊसातल्यान स्पेशल रेल्वेंतल्यान मालाची येरादारी जातली देखून गोंयांतल्यान माल फक्त 24 वरांत मुंबयच्या जेएनपीटी बंदराक पावतलो अशी म्हायती झा हांणी दिली. ह्या वेअरहाऊसाखातीर शिमीट आनी साऱ्याच्या येरादारीक चड चालना मेळटली असे तांणी सांगलें.